१७.०९.२०२५ ७.२० pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज मध्य प्रदेशांतल्या धारांतल्यान देशव्यापी स्वस्थ नारी, सशक्त परिवार अभियान आणि ८ व्या राष्ट्रीय पोषण माह शिबिराचो शुभारंभ केलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींचो आज 75वो वाडदिस निमतान वेगवेगळ्या कार्याच्लीचे आयोजन जाले

भारताचे संरक्षण दळ चड बळिश्ट जाला. प्रधानमंत्री मोदी हांणी पाकिस्तान आनी हेर राश्ट्रांक 'घर मे घुस के मारेंगे' असो संदेश दिला अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांणी आयज काणकोण तालुक्यांत 'स्वस्थ नारी सशक्त परिवार ' मोहिमेक सुरवात केली.

शाश्वत शार उदरगत आनी नितळसाण उत्कृश्टताये दिशेन म्हत्वाचें पावल उबारून शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हाणी स्वच्छता ही सेवा २०२५ , पीएम स्वानिधी योजना आणि पी एम ए वाय-यू २.० अंगिकार २०२५ चे अधिकृत उक्तावन केले

PM 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज मध्य प्रदेशांतल्या धारांतल्यान देशव्यापी स्वस्थ नारी, सशक्त परिवार अभियान आणि ८ व्या राष्ट्रीय पोषण माह शिबिराचो शुभारंभ केलो. प्रधानमंत्र्यान जिल्ह्यांतल्या भैंसला गांवांत देशांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या पीएम मित्र उद्यानाचो बुन्याद घाली . तशेंच मातृवंदना येवजणे खाला 15 लाखां वयर बायलांक अर्थीक मजत दिली. तशेंच राज्यांतल्या आदिवासी वाठारां खातीर आयोजीत केल्ल्या आदी सेवा पर्वाचें उक्तावण केलें. आरोग्य नारी, सशक्त परिवार अभियाना खाला आयोजीत जावपी भलायकी शिबिरांनी बायलांक स्वताची चांचणी करची असो उलो प्रधानमंत्र्यान मारला. ह्या उत्सवांत विकतें घेतिल्लें सगळें भारतांत तयार करचें अशें प्रधानमंत्र्यान सांगलें. वेपाऱ्यांनी आपूण विकतात तें सगळें भारतीय आसा हाची खात्री करची असो उलो तांणी मारला.तुमी जें कितें विकतें घेतात तें भारतांत तयार करचें अशें प्रधानमंत्र्यान सांगलें.

पीएम बर्थडे 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींचो आज 75वो वाडदिस.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीक त्यांच्या वाढदिसानिमित्त निरंतर भलायके खातीर आणि खोशाये खातीर शुभेच्छा दिल्या आणि आशा व्यक्त केली की त्यांचे दूरदर्शी फुडारपण देशाक प्रगती आणि समृद्धीची अभूतपूर्व उंचाय गाठपाक प्रेरित करतले. केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी प्रधान मंत्र्यांक त्यांच्या ७५ व्या वाढदिसानिमित्त शुभेच्छा दितना

म्हणला  की प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हे आज जगातले सगळ्यात लोकप्रिय, परिवर्तनकारी आणि विश्वासार्ह फुडारी आसात.

रश्मि 280

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जी हांच्या फुडारपणा खाला स्वस्थ नारी, सशक्त परिवार अभियान, आठवे राष्ट्रीय पोशन माह, सुमन शक्ति चॅटबोट, आदि कर्मयोगी अभियान आनी हेर जायत्या परिवर्तनकारी उपक्रमांच्या उक्तावणांत आभासीपणान वांटो घेतलो. गोंच्या आप मजत गटांक ₹62 कोटी मोलाची अर्थीक मजत वितरण, स्वयंपूर्ण सखींची नेमणूक, 48 आजीविका वाहनांची मंजुरी, एसव्हीईपी खाला नवे प्रकल्प सुरू करपा वांगडाच सशक्तीकरण आनी आत्मनिर्भरताये खातीर समर्पीत हेर वेगवेगळे उपक्रमां सयत सेवा पखवाडा सुरू केलो अशी  म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिली. rural development agency वरवी ही कार्यिवळ पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात जाली. ह्यावेळार गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, मंत्री , आमदार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

भारताचे संरक्षण दळ चड बळिश्ट जाला. प्रधानमंत्री मोदी हांणी पाकिस्तान आनी हेर राश्ट्रांक 'घर मे घुस के मारेंगे' असो संदेश दिला अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

 भारत देश बेगीनुच ग्लोबल सुपर पॉवर जातलो असो विस्वास ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नागरिकांक स्वदेशी आपणावपाक आनी ताचो प्रचार करपाक "गर्व से कहो हम स्वदेशी बेचते हैं" ह्या संकल्पनेवरवी देशविसीयांक उलो मारला. आत्मनिर्भर भारताच्या तशेंच स्वयंपुर्ण गोंयच्या दृश्टीकोना प्रमाण हो उलो  महत्वाचो आसा अशें मुखेलमंत्र्यान म्हळा सांगलें.

प्रधानमंत्री मातृ वंदन येवजणे वरवी पयले फावट चली जाल्यार 5 हजार आनी दुसरी चली जायत जाल्यार 6 हजार रूपया दितात .ह्या येवजणेचो लाव गोंयातल्या बांयलांक लेगीत जाला अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या.

मुख्यमंत्री, डॉ.प्रमोद सावंत हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी   हांच्या जीणेचेर आधारीत तशेंच मन की बात' ह्या रेडिओ कार्यावळींचेर आधारीत फोटो प्रदर्शनाचे उक्तावण केले. हें प्रदर्शन १९ सप्टेंबर,२०२५ मेरेन  कला अकादमीच्या कला दालनात उक्तें आसतलें.

रश्मी80

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे आयनोक्सात दशावतार ह्या मराठी सिनेमाच्या खासा स्कीनीगांक हजेरी लायली.ह्यावेळार  गोंयचे भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामू

नायक, आमदार दाजी सालकार  आमदार संकल्प आमोणकार हांचे वांगडा "दशावतार" ह्या सिनेमाच्या मराठी फिल्माचे कलाकार हाजीर आशील्ले. दशावतार हो २०२५ वर्साचो भारतीय मराठी भाशेचो सस्पेन्स थ्रिलर फिल्म सुबोध खानोलकर हाणें दिग्दर्शीत केल्लो आनी ओशन फिल्म कंपनी आनी ओशन आर्ट हाऊस हांणी तयार केल्लो. दिलीप प्रभवलकर, भारत जाधव, महेश मांजरेकर, सिद्धार्थ मेनन, अभिनय बेर्डे, आनी प्रियदर्शिनी इंडालकर हांणी ह्या सिनेमात मुखेल भुमिका केल्ल्या.

प्रसाद 100
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या  वाढदिसा निमतान आयजसावन सुरू जाल्ल्या सेवा पखवाडा कार्यावळीत  फोंणेचे आमदार तशेच कृषी मंत्री रवी नाईक हाणी रक्त दान शिबीराचे उक्तावण केले. सार्थक फाउंडेशन आणि विक्टर हॉस्पिटल हांच्या जोडपावलान ह्या शिबीराचे आयोजन केल्ले. आयज फोंडा तालुक्यातल्या वेग वेगळ्या वाठारांत आनी वेग वेगळ्या सुवातानी साफ सफाई अभियान जाले. ह्या वेळार  प्रीयोळ मतदार संघात,प्रीयोळ भाजपान आयोजित केल्या स्वच्छता अभियानात आमदार गोविंद गावडे, प्रीयोळ भाजपाच्यो अनिशा गावडे आणि हेर कार्यकर्ते वाटेकार जाल्ले.

ह्या निमतान आयज शिरोडा मतदार संघात स्वच्छता अभियान घडोवन हाडील्ले.

सुशांत 60
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या ७५ व्या वाढदिसा निमतान आयजसावन सुरू केल्ल्या सेवा पखवाडा कार्यावळी खाला आयज मडगावा रक्तदान शिबीर जाले.मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हाणी ह्या कार्यावळीचे  उक्तावण केले.आयज ह्या निमतान मडगाव वाठारांत वेग वेगळ्या सुवातानी जाल्या साफ सफाई अभियानात आमदार दिगबर कामत, मडगावचे नगरसेवक आणि हेर कार्यकर्ते वाटेकार जाल्ले.ह्या निमतान आयज नावेली हांगाच्या भलायकी केंद्रात स्वच्छता अभियानात आमदार उल्हास तुयेकेर वाटेकार जाल्ले.

Dip 120
शाश्वत शार उदरगत आनी नितळसाण उत्कृश्टताये दिशेन म्हत्वाचें पावल उबारून शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे यांनी आज पणजीत इन्स्टिट्यूट मीनेझेस ब्रागांझात आयोजित कार्याव्ळीत स्वच्छता ही सेवा २०२५ मोहीम, पीएम स्वानिधी योजना आणि पी एम ए वाय-यू २.० अंगिकार २०२५ चे अधिकृत उक्तावन केले.ह्या कार्यावळींत उलयतना मंत्री राणे हांणी राज्याचे प्रगतींत नितळसाण आनी श्रमाच्या प्रतिष्ठेची महत्त्वाची भूमिका हाचेर भर दिलो. नितळसाण कामगारांच्या कल्याणा खातीर एक इतिहासीक उपक्रम तांणी जाहीर केलो, तातूंत गोंयांतल्या दरेका नितळसाण कामगाराक तांची बरी भलायकी सुनिश्चीत जातली आनी समाजांत तांचें अत्यावश्यक योगदान मुखार येतलें.  सर्तीक प्रोत्साहन दिवपा खातीर आनी निवळ शारांक चालना दिवपा खातीर राणे हांणी नगरपालिका अधिकारक्षेत्रांतल्या निवळ शारी थळाव्या संस्थां खातीर राज्य पांवड्यावेलो पुरस्कारय सुरू केलो, जातूंत पयलें इनाम ₹10 लाख, दुसरें इनाम - ₹5 लाख, तिसरें इनाम - ₹3 लाख आसतलें.

सुभाष 60

कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांणी आयज काणकोण तालुक्यांत 'स्वस्थ नारी सशक्त परिवार ' मोहिमेक सुरवात केली. हे मोहिमेक आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत लोकांनी आपले भलायकेची जतनाय घेवची आनी दुयेंसां आडावपाचो यत्न करचो अशें तांणी सांगलें. निरोगी बायल ही निरोगी घराची बुन्याद आसा अशेंय तांणी सांगलें. तशेंच कोणाक तांच्या भलायके विशीं कागाळ आसल्यार तांणी बेगोबेग दोतोरा कडल्यान तपासणी करून घेवंची अशें तांणी मागलें.

GST 60

जीएसटीच्या नव्या सुदारणांक लागून कर उणे जावन जनतेचे सुमार दोन लाख कोटी रुपया वाचतले अशें केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. विशाखापत्तनमांत आयज जाल्ल्यान नेक्स्ट-जेन जीएसटी सुदारणां विशींच्या आऊटरीच प्रोग्रामात उलयताना सिथरामन हाणी 5% आनी 18 टक्के अशे नवीन दोन स्तरीय कर प्रणालीन दिसपट्ट्या गरजेच्या वस्तूंचेर आनी जीवनावश्यक वस्तूंवेलो भार उणो करून गरीब आनी मध्यम वर्गाक व्हड प्रमाणांत फायदो कसो करतले हाचे विशी तांणी म्हायती दिली

DIP 20

श्री कामाक्षीदेवी होमिओपॅथिक मेडिकल कॉलेज आनी हॉस्पिटल, शिरोडा आनी इंडियन रेड क्रॉस सोसायटी, गोंय हांच्या सहकार्यान राजभवनातल्या नवीन दरबार हॉलांत मल्टी स्पेशालिटी भलायकी शिबीर जालें.

स्पोर्ट्स 20

राजकोटच्या रेल्वे क्रिकेट मैदानाचेर चालू आशिल्या वरिष्ठ बायला क्रिकेट सरतीत सराव T 20 क्रिकेट सरतीत गोय पगडान सौराष्ट्राचो ७ विकेटीन पराभव केलो

Imd 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान २८.७ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता